
# पाबलो नेरुदा
# लोक कवी

लेखक: मोनीका ब्रावन
चित्रां: जुली पासकिस
कोंकणी अणकार: डॉ. तन्वी कामत बांबोळकार




# पाबलो नेरुदा: लोक कवी

**मोनीका ब्रावन**

**चित्रां: जुली पासकिस**

**कोंकणी अणकार: डॉ. तन्वी कामत बांबोळकार**

**हॅन्री हॉल्ट ॲण्ड कम्पनी, न्युयॉर्क**




READ
WISELY



एमा, ओली, ब्रुक आनी झॅका खातीर...
- एम. बी.

ज्यो ह्या म्हज्या प्रवास सांगात्याक...
-जे. पी.




नॅफ्ताली नांवाचो एक माणकुलो भुरगो आसलो. सगल्या रानवटी गजालींचेर तो रानवटीपणान आनी शांत गजालींचेर शांतपणान मोग करतालो.




ज्या खिणा सावन तो उलोवंक लागलो, त्या खिणा सावन चीलींतल्या ताच्या घरा लागसार व्हांवपी न्हंये सारकींच हालपी आनी धोलपी उतरां ताचे भोंवतणीं घुंवतालीं.




नॅफ्तालीक रानान खेळपाक, घोड्याचेर बसपाक आनी ताच्या इश्टा वांगडा न्हंयेंत पेंवपाक खूब आवडटालें.


नेफ्तालीचो बापूय रेल्वे कर्मचारी आसलो. केन्ना केन्नाय तो ताच्या पुताक रेल्वे गाडयेंत व्हरतालो.




जेन्ना रेल्वे थांबताली, तेन्ना नॅफ्ताली धांवन रानांत वतालो आनी किडे आनी सवण्यांचीं तांतयां तशेंच दुकां भशेन उदक गळोवपी लांब पानां सोदतालो.




ताच्या इश्टां भशेन नॅफ्तालीक फुटबॉल खेळपाक वा एकॉर्न्स शेवटुपाक हुशार नासलो, पूण ताका पुस्तकां वाचपाक आनी तातूंतल्या पानां मदलो जादू सोदपाक खूब आवडटालें.





गाब्रियेला मिस्त्राल नांवाच्या एका खास शिक्षिकेन, ताका पयस पयसुल्ल्या प्रदेशांतलीं कांय बरीं-बरीं पुस्तकां दिलीं, आनी नॅफ्तालीन थारायले – आपुणूय फुडाराक लेखक जातलों.





किशोरवयाचो आसतना, नॅफ्तालीन आपलें नांव बदलून पाबलो नेरुदा दवरलें आनी ताणें आपल्यो कविता उजवाडावपाक सुरवात केली. तो सदांच पाचवे शायेन बरयतालो - रानांतल्या पानांचो आनी ताच्या पांया पोंदच्या तणाचो हो रंग.



उपरांत पाबलो सांतियागो नांवाच्या व्हडल्या शारांत गेलो आनी थंय ताची जायत्या लेखकां कडेन वळख जाली. पाबलो आनी ताचे इश्ट व्हडले काळे झगे आनी लांब चेपीं घालून रस्त्यांचेर भोंवताले. ते पुस्तकांचेर उलयताले आनी जे कोणूय तांच्यो कविता आयकतात, तांचे मुखार कविता सादर करताले.




आपल्याक आवडटा त्या गजालींचेर, तशेंच ताच्या कलाकार इश्टांनी तयार केल्ल्या कलाकृतींचेर, बाजारांत मेळपी वस्तूंचेर आनी सैमांतल्या घटकांचेर पाबलो कविता बरयतालो.





ताणें कातरी, तोपणा, कदेलां आनी रिंगां विशीं बरयलें. ताणें बुतांव, पांखां तशेंच बूट आनी तोपयां विशीं बरयलें. ताणें दर्याच्या रंगाच्या विलुदाच्या कपड्यांचेर बरयलें.




पाबलोक उरफाट्यो गजाली आवडटाल्यो. म्हणून ताणें उजो आनी पावस तशेंच वसंत आनी शिशीर रुतूं विशीं बरयलें.





रस्त्यांचेर आनी ताच्या इश्टां मदीं पाबलोन खोस आनी दुख्ख दोनूय पळयलें म्हणटकच ताणें दोगां विशीं बरयलें.




पाबलोक चीलींतले फातर खूब आवडटाले.

ताणें दर्यादिगेर ल्हारांनी हाडून वडयल्ल्या फातरां विशीं आनी रेवेंत आनी मिठांत चकचकीत केल्ल्या फातरां विशीं बरयलें.





ताणें दोंगराच्या तेंगशेवेल्यान गडगडपी फातरा विशीं आनी फातर फोडप्यांच्या हातांतल्या फातरा विशीं बरयलें.





पाबलोक दर्या आनी ताच्या पांया पोंदच्या रेवेंचो स्पर्श खूब आवडटालो.


चीलींतल्या ताच्या घरा लागसारचे दर्यादेगेर पासय मारपाक ताका खूब मानवताले.




ताका स्टारफिश, शेवाळ, तांबडी कुल्ली आनी पाचवें उदक दिसलें. ताणें डॉल्फीनांक ल्हारांचेर खेळटना पळयले आनी दर्यादेगेर कळमेल्लें नांगर पळयलें.




दर्याच्या फेणेरांत आनी रेवेंत, फातर चुकयत आनी ल्हारां फाटल्यान धांवत खेळपी भुरग्यां विशीं पाबलोन बरयलें.




चीलीचे संपत्तींत आनी आस्तेंत, भुरग्यांचो वांटो आसचो अशें ताका दिसताले.




पाबलोचीं जायतीं घरां आसलीं. एक अर्दें जग पयस स्पेनांत आसलें. ह्या घरा भोंवतणीं वता थंय तांबडीं फुलां फुलतालीं, ते खातीर ताका फुलांचें घर म्हणटालें.

फुलांचें घर सदांच सुणीं, जाणटे-नेणट्यांनी भरिल्लें आसतालें.




कारण सगल्या गजालीं परस आनी सगल्या उतरां परस पाबलो नेरुदाक मनशां आवडटालीं.

पाबलोक आवयो, बापूय, कवी, कलाकार, भुरगीं, शेजारी, आनी संवसारभरचे ताचे इश्ट आवडटाले. तांकां वेंगावपाक तो सदांच तयार आसलो.




कोळशाचे खणींत खूब थोड्या दुडवां खातीर धोक्याचे स्थितींत काम करपी कामगारांक पळोवन पाबलोक राग आयलो. ताणें तांकां शिंयांत, भुकेंत आनी दुयेंत पळयले, तेन्ना ताणें तांची काणी लोकां मुखार मांडपाचें थारायलें.




न्याय मेळोवपा खातीर जे झगडटाले तांचे वांगडा तोय सामील जालो आनी सुटके खातीर संघर्श करपी सगल्या कामगारांक मान दिवपाक ताणें कविता बरयल्यो.

जायते फावटीं ताच्या कवितांचेर फुडारी रागार जाताले, पूण ताणें कविता बरोवप बंद केले ना, कारण तो लोक कवी आशिल्लो.




जेन्ना सैनीक ताका अटक करूंक आयले तेन्ना इश्टांच्या घरांत आश्रय घेतलो आनी घोड्याचेर बसून चीलीच्या दोंगरावेल्यान तो पळून गेलो.




पाबलो नेरुदा धाडशी आसलो. चीलीची काणी संवसारा मुखार मांडपाक तो मातूय भिलो ना.